**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं**

ता. 31 डिसेंबर 2020

गोंयचे राज्यपाल श्री. भगत सिंह कोश्यारी हांणी गोंयच्या लोकांक नव्या वर्साची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, " नव्या वर्साच्या शुभ प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी काळजासावन परबीं आनी शुभकामना दिता.

प्रत्येक नवें वर्स हे आमकां फाटी वळून पळोवपाक आनी फुडारा खातीर मनन करपाक म्हत्वाचो प्रसंग जावन आसा. कोवीड-19 म्हामारीक लागून सरते वर्स कठीण परिस्थितीचे आशिल्ले आनी चडशें वर्स ह्या जीवघेण्या संसर्गाआड झगडपात गेले. पुण, लोकांचो बरो तेंको आनी सहकार्याक लागून सरकाराक यशस्वीपणान ह्या संसर्गाक आळाबंद घालपाक आनी लोकांचो जीव वाटोवप शक्य जाले. प्रत्येक कठीण प्रसंगातल्यान नवीन संदी मुखार येतात आनी आयच्या ह्या कठीण काळात आत्मनिर्भर भारत आनी स्वयंपुर्ण गोंय ह्यो नव्यो संकल्पना जल्माक आयल्यो. म्हामारीचो कठीण काळ आसून लेगीत गोंयांन अर्थवेवस्था उक्ती करून, लोकांक कल्याणकारी सुविधा आनी येवजणो दिवन आनी पर्यटन प्रोत्साहना खातीर पावला उबारून बरी प्रगती केली. गोंय मुक्ती दीस 2020 च्या इतिहासीक प्रसंगार गोंय मुक्तीचे 60वे वर्स वेगवेगळ्या कार्यक्रमांनी मनोवपाच्या सुवाळ्याची सुरवात जाली.

आमी नव्या वर्साकडेन नव्यो अपेक्षा आनी उमळशीकेच्या नदरेतल्यान पळयतात. कोरोना संसर्गाआड सुरक्षीत आनी परिणामकारक वासीन येवपाची आमी आतूरतायेन वाट पळयतात. नव्या वर्सात स्वयंपुर्ण गोंय येवजणेची यशस्वीपणान अंमलबजावणी करून राज्यांच्या सर्वांगी सामाजीक आनी अर्थिक विकासात आनीक सुदारणा करपाचो निश्चय करूया.

नवें वर्स समस्त गोंयकारांच्या जीणेत चड शांतीकाय, उत्साह आनी भरभराट घेवन येव," अशें राज्यपाल फुडें म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/773

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa